# अबकारी कायद्याचे उल्लघन करप्यांआड कारवाय

ता. 30 जानेवारी 2018
10 माघ 1939

अबकारी खात्यान स खास भरारी पंगडाच्या मजतीन राज्यात गोंय अबकारी कायदो आनी नेम मोडप्यांआड कारवाय सुरू केल्या. ह्या भरारी पंगडांखेरीत प्रत्येक तालुक्यातले अबकारी निरीक्षकाकडल्यान रातच्या उसरामेरेन अकस्मात तपासणी करपाची कारवाय जाता.

योग्य परवानो नासताना सोरो विकप, सोरो विकपाक वेळेची मर्यादा पाळप ना आनी हेर अबकारी नेम मोडिल्लेखातीर 26 जाणांचेर अबकारी खात्यान कारवाय केली.

तशेंच अबकारी खात्यान सोरो पियेवपाची वेवस्था आशिल्ल्या कार्यक्रमांचे आयोजन करपी व्यक्तीनी संबंदीत तालूका कार्यालयातल्यान आवश्यक परवानो घेवपाचो आदेश दिला.

अबकारी कायदो आनी नेम मोडप्यांआड भरारी पंगडा कडल्यान हे फुडेंय अशीच कारवाय चालू उरतली.